गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक 05, वर्स 2018**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 25.05.2018 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांनी" नमुद केल्ल्या प्रमाणें मुलाखतीक आपोवंक, आयोग उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I. गोंय वैजकी महाविद्यालय

**1. अस्थिरोग चिकित्सेंत व्याख्यातो (Lecturer in Orthopaedic Surgery) .... 1 पद**

**वेतन श्रेणी:** रु.15,600-39,100+6600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

**पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवेची पात्रताय मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत वरिश्ठ निवासी दोतोर/ निबंधक/ अनुशिक्षक (Tutor)/ निदर्शक (Demonstrator) म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो तीन वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:–** मराठीचें गिन्यान.

**II. <u>उच्च शिक्षण संचालनायल</u>**

**2. गोंय गृह विज्ञान महाविद्यालयांत प्राचार्य ......1 पद (दुसरे फावटी)**

**वेतन श्रेणीः** रु.37,400-67,000+ 10,000/- विशेश भत्तो रु.2000 (पूर्व सुदारीत)

**पिरायः** 50 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यकः** (i)मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान उण्यांत उणे 55 टक्के गूण मेळयल्ली संबंदीत/तत्सम/संबंदीत विशयांतली मास्टर पदवी आसूंक जाय (वा जंय श्रेणी पध्दत मानतात थंय गूण श्रेणींत तत्सम श्रेणी). (ii)प्रकाशीत काम आनी संशोधन मार्गदर्शका सयत संबंदीत संस्थेंत संबंदीत/तत्सम/संबंदीत विशयांतली पीएच.डी. पदवी आसूंक जाय. (iii)विद्यापिठां, महाविद्यालयां आनी उच्च शिक्षण संस्थांनी शिकोवप/संशोधन/प्रशासनांत सहयोगी प्राध्यापक/ प्राध्यापक म्हूण एकूण पंदरा वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. (iv) विद्यापीठ अनुदान आयोग (उच्च शिक्षणांत दर्जो साबांळपा खातीर विद्यापिठां आनी महाविद्यालयां आनी हेर संस्थांनी शिक्षक आनी हेर शिक्षणीक कर्मचारी नेमूंक लागपी उण्यांत उणी पात्रताय) नियमन, 2010 तले जोडणी **III** च्या **I ते** IX तकट्यांत थारायल्ले प्रमाणें, शिक्षणीक कामगिरी दर्शन (एपीआय) आदारीत कामगिरी मूल्यांकन पध्दतींत (पीबीएएस) निर्धारीत केल्ले उण्यांत उणे गूण मेळोवंक जाय. (v) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय. (vi) राज्यांत उण्यांत उणो पंदरा वर्सांचो अधिवास आसूंक जाय.

***टीपः*** “संबंदीत विशय म्हणल्यार , कला , विज्ञान, वाणिज्य, गृह विज्ञान आनी भारतीय शास्त्रीय संगीत (गायन वा वाद्य संगीत)”.

**ऐच्छिकः**– मराठीचें गिन्यान.